प्रादेशिक खबरो २3.१०.२०२५ @ 7.25 am

rashmi 60

राज्यातल्या water sportsचे बेकायदेशीर तिकीट आनी प्रचाराचेर आळाबंदा हाडपा खातीर पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी ह्या फुडे खर कारवाय जातली अशी शिटकावणी दील्या. कळंगुटचे  आमदार मायकल लोबो आनी साळगांवचे  आमदार केदार नायक तशेंच पर्यटन खात्यातल्या अधिकाऱ्यांकडेन तानी बसका घेतली. water sports मळार पारदर्शकता सुनिश्चीत करपाक आनी पर्यटक-अणभव सुदारपाक एक/सारके दर- बोर्ड आनी समर्पीत kiosk सुरू करतले अशी म्हायती मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या.

ganesh 55

पर्वरे- म्हापशें मार्गार elevated  कॉरीडॉरच्या फुडल्या टप्प्यांतल्या कामा खातीर आतां येरादारींत व्हड बदल करचे पडटले. पर्यटनमंत्री आनी पर्वरीचे आमदार रोहन खंवटे हांणी काल सकाळीं अधिकाऱ्यां सयत कामाची पळोवणी केली. ह्या वेळार म्हापशेंचे आमदार जोशुआ डिसोझा हाजीर आशिल्ले. पर्वरी महिंद्रा शोरूमा मुखार सुरू आशिल्ल्या कामाची तांणी पळोवणी केली. उत्तर गोंयचे जिल्लोधिकारी अंकीत यादव आनी पुलीस अधिकाऱ्यांक तांणी म्हत्वाच्यो सुचवण्यो केल्यो.

सुभाष 30

पांचवेंत शिकपी अनुसुचीत जमातीच्या विद्‌यार्थ्यां खातीर पूर्व-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती येवजणे खाला मुख्यमंत्री शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर अर्ज सादर करपाची वेळ आदिवासी कल्याण संचालनालयान वाडयल्या. आता अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक ३० नोव्हेंबर २०२५ अशी आसा

Rashmi 80

गोंय बार्ज मालक संघटनेचे वांगड्यानी काल भौशिक बांधकाम  मंत्री दिगंबर कामत हांची पर्वरे मंत्रालयात भेट घेंवन ह्या क्षेत्राचेर परिणाम करपी बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ल्या प्रस्नांचेर चर्चा केली. 2012 वर्सा सावन बार्ज उद्देगाक शेगीत लुकसाण जावपाक लागलां अशें संघटणेन सांगलां आनी वर्सुकी उण्यांत उणें 2 कोटी टन धातुक आनी हेर खनिजां हाताळपाची खात्री करची, जाका लागून कामां परतून सुरू करपाक आनी तिगोवन दवरपाक मदत जातली अशी मागणी ह्या संघटनेन केला. संघर्श करपी उद्देगाक परतून उर्बा दिवपा खातीर बार्ज मालकांक सरकारी आदार दीवची अशे संघटनेच्या जाळवणदारांनी म्हणला.

पेरणी  60

कला आनी संस्कृती मंत्री रमेश तवडकर ह्यांच्या हसतुकी २७ ऑक्टोबर २०२५ दिस सांजे  साडे चार वरांचेर संस्कृती भवन, पाटो, पणजी हांगा डॉ. पांडुरंग फळदेसाई ह्यांनी   बरयलल्या  "पेरणी झागोर" या पुस्तकाचे प्रकाशन जातले

भावू बीज  70

आयज भावू बीजीचो उत्सव मनयतात जो  दिवाळे उपरांत येता आनी पांच दिसांच्या उत्सवाचो शेवट जाता. भाऊफोटा, भाऊबीज, भाऊ टीका किंवा यम द्वितीय. अशा वेगवेगळया नांवांनी वळखतात भाव-भयणीं मदलो सासणाचो मोग, राखण आनी आशीर्वाद हांचें प्रतीक. ह्या शुभ दिसा भयणी आपल्या भावांच्या कपलाचेर तिळक लावून  तांची सुरक्षीतताय आनी दीर्घायुष्याची प्रार्थना करतात. ताचे बदला भाव आपल्या भयणींची राखण आनी जतनाय  घेवपाचें उतर दितात.

DIP  45

खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयान 2023_24 आनी 2024_25 वर्सांच्या राज्य युवा पुरस्कारा खातीर अर्ज करपाची मुजत 31 ऑक्टोबर मेरेन वाडयल्या15 ते 29 वर्सां पिरायेचे तरणाटे वैयक्तीक पुरस्कारा खातीर अर्ज करपाक पात्र आसात.

अर्ज, पात्रताय नेम आनी अटी आनी हेर म्हायती खेळां आनी तरणाटे वेव्हार संचालनालयाच्या संकेतथळार www.dsya.goa.gov.in

Sports 110

वेदान्ता 16 वर्सा सकयल्या युथ कप फुटबॉल सर्तेक गोयात मंगळारा सावन सुरवात जाल्या. चवथ्या आवृत्तीच्या सर्तीत अंदु 8 पगडाचो आस्पाव आसा

गोयात जावपी फिडे विश्व करंडक बुद्धिबळ सरत उत्तर गोयात ३१ ऑक्टोबर ते 27 नोव्हेंबर मरेन जातली. हि सरत खूप महत्वाची मानतात कर्म ह्या सर्तीतले पयले तीन सर्तक २०२६ त जावपी संसारिक जेते पदा खातीर पात्र थारतले

युनायटेड क्लब वेर्णाक 3-0 अशा फरकांनी हारोवन गार्डियन अॅंजेल स्पोर्टस क्लबान ब्र.युलालियो वाझ आंतरगांव फुटबॉल सर्तीचे फुडले फेरयेंत सुवात मेळयली. मॅच फातोर्डेच्या डॉन बॉस्को ऑरेटरी मैदानाचेर जाली.
आंबेली स्पोर्ट्स क्लबान 16 वर्षां पिराये सकयले विभाग दोन मॅचीच्या साश्टट झोनांत नावेली व्हिलेजर्स युनियनाक 8-2 अशा व्हडा फरकान हारायलो.

वेदर 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 34 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला. राज्यात फुडले काय दिस काय वाठरांनी हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला